भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# देव गुलाम जोसेफाचो भोवमान करता



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- M. Maillot; Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- M. Maillot; Sarah S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

जोसेफाक ताच्या आदल्या मालक पोतीफारान चुकीच्या रितीन बंदखणींत दवरलो. बंदखणींत जोसेफ आज्ञाधारक आनी उपकाराक पडलो. वार्डनान जोसेफाक बंदखणीचें जिवीत घडोवन हाडपाक विस्वास दवरलो. देव जोसेफा वांगडा आशिल्ल्यान बंदखण सगळ्यां खातीर एक बरी सुवात जाली.




राजाचो पदेर आनी बटलर बंदखणींत आशिल्ले. “तुमी इतले दुख्खी कित्याक आसात?” जोसेफान तांकां एक दीस विचारलें. “आमच्या सपनांचो अर्थ कोणूच दाखोवंक शकना,”
त्रासांत आशिल्ल्या मनशांनी जाप दिली.

“देवाक शकता!” जोसेफान म्हणटले “सपन सांग.”





“तुज्या सपनाचो अर्थ तीन दिसांनी तूं परत राजा फारोच्या फायद्याक येतलो,” जोसेफान बटलराक सांगलें. “म्हाका याद कर आनी फारोक म्हाका मुकत करपाक सांग.” पदेराच्या सपनांत वायट खबर आयली. “तुमी तीन दिसांनी मरतले.” जोसेफान म्हणलें. दोनूय सपनां साकार जालीं.

पूण फारो एक दीस त्रासांत जागो जायसर बटलर जोसेफाक विसरलो. “हांवें एक सपन पळयलां,” तो रडलो.



ताच्या खंयच्याच ज्ञानी मनशान ताका ताचो अर्थ दाखोवंक शकलो ना. मागीर बटलराक बंदखणींतल्या जोसेफाची याद जाली. ताणें फारोक ताचे विशीं सांगलें.

फारोन रोखडेंच जोसेफाक आपोवंक धाडलो. “तुजें सपन देवा कडल्यान आयिल्लो संदेश,” जोसेफान राजाक सांगलें. “इजिप्ताक सात वर्सां भरपूर मेळटले, मागीर सात वर्सां भयानक दुकळ पडटलो.”



“सात बऱ्या वर्सांत अन्न
वाचवपाची आतां येवजण करात,”
जोसेफान फारोक सल्ला दिली,
“नाजाल्यार तुजे लोक दुकळांत
उपाशीं मरतले.” “देव
तुज्या वांगडा आसा,”
फारोन जाहीर केलें.
“तुमी इजिप्तांत
काम सांबाळटले,
म्हजे उपरांत
दुसरो अधिकार.”



सात वर्सां भरपूर आयले. मागीर सात वर्सां दुकळ. इजिप्त सोडल्यार सगळेकडेन अन्न उणें आशिल्लें, जंय तांणी बुद्धीन व्हड पुरवण वाचयली. जोसेफाच्या पयसुल्ल्या मायभूंयांत जाकोबाचें कुटुंब उपाशी आशिल्लें.



सगळ्या देशांतले लोक अन्न विकतें घेवपाक इजिप्त गेले.
“तुमीय वचूंक जाय,” जाकोबान आपल्या पुतांक आदन्या केली, “नाजाल्यार आमी उपाशीं मरतले.”
इजिप्तांत पावतकच, पूत अन्न विकतें घेवपाक तयार जाले.



जाकोबाचे पूतानी इजिप्ताचेर प्रभारी
आशिल्ल्या स्वामी मनशा मुखार नमस्कार
केलो. तांणी आपलो भाव जोसेफाक वळखलो
ना. पूण जोसेफ तांकां वळखलो. जोसेफाक
ताच्या भुरगेपणांतल्या सपनांची याद जाली.
देवान आपल्या भावां परस ताका चड उखल्लो.



जोसेफ खूब बुद्धीमान आशिल्लो. तो खरखरीत उलयलो आनी आपलो भाव सिमीयोनाक बंधक दवरलो. “जेवण घे, घरा वचून तुज्या धाकल्या भावाक हाड,” ताणें आदेश दिलो “तेन्ना म्हाका कळटलें तुमी गुपतचर न्हय.”



जायत्या वर्सां आदीं जोसेफाक गुलाम म्हूण विकल्ल्यान देव तांकां व्यास्त दिता अशें भावांक दिसलें.



जाकोब आनी ताचे पूत घुस्पले. “आमचे पयशे कड्डुणांत परत
जाले. आनी राज्यकर्त्यान म्हणलें आमी बेंजामिन हाडपाक
जाय.” जाकोबान बेंजामिनाक सोडलो ना.
पूण रोखडेंच जेवण सोंपलें. भावांक परत
इजिप्तांत वचचें पडलें. बेंजामिन तांचे
वांगडा गेलो.



जोसेफान बेंजामिनाक पळेलें तेन्नां ताणें आपल्या नोकरांक व्हडली मेजवानी तयार करुंक आदन्या केली. भावांक आपयले. “तुजो बापूय जियेता आनी बरो आसा?” जोसेफान विचारलें. घडये तो सगळ्या कुटमाक कशें एकठांय हाडूंक शकता हाचो विचार करतालो.



जोसेफाक कळपाक जाय आशिल्लें की ताच्या भावांक खरेंच जायत्या वर्सांच्या पातकाची दुख्ख जाला काय ना. तें मेजवानी उपरांत ताणें तांचेर चोरपाचो आरोप केलो. “तुका ख्यास्त दिवपाक हांव बेंजामिनाक म्हजो गुलाम म्हणून दवरतलों,” जोसेफान



म्हणलें. “माझ्या स्वामी, ताचे बदला म्हजो जीव घे.” जुदान विनवणी केली. जोसेफाक कळ्ळें की जोसेफाक विकपाची सुचोवणी केल्लो जुदा खऱ्यांनीच बदल्ला.



आतां आपल्या कुटुंबा कडेन आशिल्लो
मोग लिपोवंक शकनाशिल्ल्यान, जोसेफान
सगळ्या इजिप्तांतल्या लोकांक
भायर धाडले. मागीर
तो रडपाक लागलो.
“हांव तुमचो भाव
जोसेफ, जाका
तुमी इजिप्तांत
विकलो.”

अजापीत जावन
आनी भियेवन,
भावांनी कांयच
म्हणलें ना.

जोसेफान आपल्या भावांक उर्भेवंत
केलें. “देवान म्हाका इजिप्तांत
स्वामी केलो, जाका
लागून हांव ह्या दुकळांत
तुमचो जीव वाटावंक शकता.
वचून, म्हज्या बापायक हाड.
हांव तुमची काळजी घेतलों.”





जाकोब आनी
जोसेफ इजिप्तांत परत
मेळ्ळे आनी सगळें कुटुंब थंय
शांतीन रावलें आनी तांकां
कांयच उणे नाशिल्लो.

देव गुलाम जोसेफाचो भोवमान करता

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

उत्पत्ती ३९-४५

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! ज़ुांव 3:16